राष्ट्रीय खबरो

०२.१२.२०२५ @ ६.३० pm

मतदार वळेरीच्या विशेष सघन पुनरीक्षणा सयत वेगवेगळया मुद्द्यांचेर विरोधकांच्या गोंधळाक लागुन लोकसभा दनपारा १२:०० मेरेन तहकूब केली . लोकसभेन प्रश्नोत्तराचे वर सुरू केले तेन्ना विरोधी सदस्यांनी घोषणाबाजी सुरू केली. मंत्र्यांनी ह्या उपस्थित केल्या प्रश्नाक जापो दिल्यो पुण विरोधी सदस्यांनी घोषणाबाजी सुरूच दवरिल्यान सभापतींनी सभाघर दनपार १२:०० मेरेन तहकूब केले. मजगती ह्याच कारणान राज्यसभाय २ वरा मेरेन तहकूब केली

केंद्रीय संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू यांनी विरोधी पक्षांच्या फुडाऱ्यांचेर विशेष सघन मतदार यादी (SIR) च्या मुद्द्या वेल्यान संसदेच्या कामकाजात आडमेळ हाडिल्याबद्दल टीका केली. संसदे भायर माध्यमांकडे उलयताना ताणी म्हणाले की, विरोधकाक नवीन मुद्दे सोदपाची आणि संसदेत आडमेळ हाडपाची गरज ना.कामकाजाची वळेरी तयार केल्या आणि खुपशे मुद्दे आसात आणि सरकार विरोधी पक्षांनी उपस्थित केल्या मुद्द्यांचेरूय चर्चा करतले.Byte रीजीजु

काशी-तमिळ संगमाची चौथी आवृत्ती आज उत्तर प्रदेशातल्या वाराणसीत सुरू जाता. केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान आणि उत्तर प्रदेशचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ संयुक्तपणान या कार्यक्रमाचे उक्तावण करतले. हाचो उद्देश उत्तर आणि दक्षिणेतले संबंध घट्ट करप आसा. आज सांजे नमो घाट हांगा भव्य उक्तावण समारंभ जातलो. या वर्साच्या कार्यक्रमाचो मथाळो 'चला आमी तमिळ शिकूया वा तमिळ करकलम' आसा. या आयतारा त्यांच्या मन की बात कार्यक्रमात प्रधान मंत्र्यानी म्हणीले की, काशी-तमिळ संगमम हे तमिळ भाषेकडे संलग्न आशिल्या सगळयांक एक महत्त्वाची माची जाल्या

सायबर फटवणुकी खातीर दूरसंचार संसाधनांचो गैरवापर रोखपाक आणि दूरसंचार सायबर सुरक्षा सुनिश्चित करपाक संचार साथी ॲप सुरू केला अशे दूरसंचार मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी सांगले. संसदे भायर पत्रकारांकडे उलयताना सिंधिया हांणी स्पष्ट केले की, जर कोणाक जाय तर संचार साथी ॲप मोबाईल फोनातल्यान डिलीट करपाक मेळटा आणि ते इन्स्टॉल करचे की ना हे वापरकर्त्यांचेर अवलंबून आसा. गिरायकांक मदत करप आणि त्यांची सुरक्षितता सुनिश्चित करप हे सरकाराचे कर्तव्य आसा असो पुनरुच्चार ताणी केलो. मंत्र्यांनी माहिती दिली की संचार साथीन सुमार १.पंचात्तर कोटी फटीच्या मोबाइल कनेक्शनाची जोडणी तोडपाक सक्षम केले आणि सुमार २० लाख चोरीक गेल्ले फोन सोदपाक मदत केली ज्यापैकी सुमार ७.५ लाख फोन त्यांच्या मालकांक परत दिले. विरोधकांचेर टीका करताना ते सभागृहाच्या कामकाजात आडमेळ हाडपाचे मुद्दे सोदपाचो प्रयत्न करतात अशे तांणी म्हळे

गोयात मुख्य वेचणूक अधिकारी (सीईओ) कार्यालयानसगळ्या मतदारांक विनंती केल्या की ज्यांनी अजुन त्यांचे गणना फॉर्म सादर करूंक ना त्यांनी ते बेगीनात बेगीन करचे, सादर करपाची निमणी तारीख ११/१२/२०२५ मेरेन वाड्यल्या . अधिक सोयी खातीर, मतदार त्यांचे गणना फॉर्म voters.eci.gov.in या वेबसाइटर मतदार पोर्टलावरवी ऑनलाइन सादर करू शकतात.

चिलीतल्या सँटियागो हांगा बायला हॉकीत भारतीय ज्युनियर पंगडान नामिबिया चेर १३-० असो विजय मेळोवन FIH ज्युनियर बायलानच्या विश्वचषकात आपल्या मोहिमेची सुरुवात केली. या विजयासयत भारत गुण/तालिकेत अव्वल स्थानार पावला.

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा आनी पंजाब हांगा थंड ल्हारांचो अदमास उक्तायला . आंध्र प्रदेश, केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी, आनी कराईकल ह्या वाठारांनी मध्यम ते व्हड प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय आसा. आयज हिमाचल प्रदेश, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा आनी ओडिशा हांगा दाट धुकें पडपाची शक्यताय आसा.